२५-०५-२०२६

सकाळी: ७.२५

प्रादेशिक खबरो

बारावी निकाल -

गोंय शालान्त मंडळान घेतिल्ल्या बारावेच्या पुरवणी परीक्षेचो निकाल 50 टक्के लागला. पुरवणी परीक्षक लेगीत विद्यार्थ्यांपरस विद्यार्थीनींची कामगिरी सरस जाल्या. ही परीक्षा म्हापसा आनी मडगाव या दोन केंद्रांनी 6 मे 2026 ते 16 मे 2026 मेरेन जाल्ली.

म्हापसा केंद्राचो निकाल 46.12 टक्के जाल्यार मडगाव केंद्राचो निकाल 55.80 टक्के लागला. म्हापसा केंद्रात कला शाखेत बशिल्या 168 विद्यार्थ्यांपयकी 79, वाणीज्य शाखेत 172 विद्यार्थ्यांपयकी 68, विज्ञान शाखेत 262 विद्यार्थ्यांपयकी 129 जाल्यार वेवसायीक शाखेत 42 विद्यार्थ्यांपयकी 21 जाण पास जाले. मडगाव केंद्रात कला शाखेत बशिल्या 154 विद्यार्थ्यांपयकी 92, वाणीज्य शाखेत 183 विद्यार्थ्यांपयकी 97, विज्ञान शाखेत 353 विद्यार्थ्यांपयकी 208 जाल्यार वेवसायीक शाखेत 120 विद्यार्थ्यांपयकी 55 जाण पास जाले.

प्रस्नपत्रिकेच्या फोटोकॉपी खातीर अर्ज करपाची निमणी तारीख 1 जून 2026 आसून शुल्क एके विशयाक 350 रूपया आसा.

**प्रेरणा दीन**

गोंय सरकारकार आदीवासी कल्याण संचालनालय आनी उटा संघटणेच्या जोड पालवान आयज 25 मे दिसा, केंपे तालूक्यातल्या आंबावलेच्या ईडन इको गार्डनांत प्रेरणा दिसाची मुखेल कार्यावळ जातली. हेविशी म्हायती दितना आदिवासी कल्याणमंत्री तशेच खेळा आनी युवा वेव्हार आनी कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हांणी सांगले

ह्या कार्यावळींत गोंयचे मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत; गणेश गांवकार, गोंय विधानसभेचे मानादीक सभापती; मंत्री रमेश तवडकर, प्रियोळ मतदारसंघाचे आमदार गोविंद गांवडे; आमदार आंतोनियो वाझ; अनुसूचित जाति/जमाति गोंय आयोगाचे अध्यक्ष रविंद्र गांवकार; एसटी कॉर्पोरेशनाचे अध्यक्ष वासुदेव एम. सुश्री चेष्ट यादव, आयएएस, आदिवासी कल्याण सचीव; आदिवासी कल्याण संचालक निलेश धैगोडकर; आदर्श कृष्ण सहकारी संस्था लिमिटेडचे माजी मंत्री आनी अध्यक्ष प्रकाश वेळीप; प्रीतिदास गांवकार आनी हेर मानेस्त हाजीर रावतले.

साखळी पूरुमेंत बाजार

गोंय सरकारचे ग्रामीण उपजीविका मिशन, ग्रामीण विकास खातें आणि रवींद्र भवन साखळी ह्यांच्या जोडपालवान दोन दिस पूरुमेंत बाजाराचें आयोजन दबाज्यान जाले.. मुखेलमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हे मुखेल सोयरे म्हुण हजर आसले. दोन दिस चलिल्ले हे पुरमेत बाजार साखळीच्या रवींद्र भवन वाठारात जालें. हे कार्यावळीक मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांच्या सांगतान दिवचलचे आमदार डॉ चंद्रकांत शेटये, आदले आमदार विनय तेंडुलकर, मये मतदारसंघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, साखळीची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू, रवींद्र भवन चे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमूलकर आणि हेर मानेस्त हजर आसले. मुक्तानंद सोहळ्यात मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांणी सांगलें; विकसित भारतचे सपन पुराय करता आसतानाच विकसित गोवा करपा खातीर गोंयच्या बायलानी सक्रिय वाटों घेवचो. तांका योग्य मार्गदर्शन मेळत जाल्यार गोंयातली बायलां समाजात व्हड बदल घडोवपाक शकता आनी गोय सरकार तांचे खातीर सदाच वावुरतलो. हाकाच लागून चढानचढ ग्रामीण वाटारातल्या बायलांनी स्वयंरोजगार तशेंच आपवावेरपी पंगडांचे वांगडी जपाची गरज आसा

ह्या पुरमेंत बाजार कार्यावळीत तरेकवार सांस्कृतिक कार्यावळी आयोजित केल्यो.

## हवामान

विविध वातावरणीय बदलांक लागून गोयात आयज  जगलां आनी गडगड मारून पावस पडपाची शक्याताय गोंय वेदशाळेन उक्तायल्या. ते खातीर गोयात  यल्लो alert जारी केला. आज हवामान खात्यान नोंद केला त्ये प्रमाण  पणजेंत चडांत चड तापमान 34.8  आनी उण्यांत उणे 27.8 अंश सेल्सिअस जाल्यार मुरगांवांत चडांत चड 34 .६  आनी उण्यांत उणे.27.९ अंश सेल्सिअस तापमानाची नोंद जाल्या.

आयपीएल

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती कोलकातातल्या ईडन गार्डन्सात  जाल्ल्या निमण्या लीग खेळात दिल्ली कॅपिटल्स  पंगडान कोलकाता नाइट रायडर्स पंगडाक ४० धावंड्यांनी हारयले. दिल्ली कॅपिटल्स पंगडान कोलकाता नाइट रायडर्स मुखार २०४ धावंड्यांचे मोख दवरील्ले. उपरांत, कोलकाता नाइट रायडर्स पंगडाचो डाव १८.४ शटकात १६३ धावंड्यातूच सोपलो. तेआदी वानखेडे स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात राजस्थान रॉयल्स पंगडान मुंबई इंडियन्स पंगडाक ३० धावंड्यांनी हारयले.

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी ‘खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर ,पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी- इंग्लीश अणकार करपाचें कसब ,प्रसारणाखातीरयोग्य आवाज जाय. अर्ज करपाची निमणी तारीख 1 जून २०२६ आसा.

अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.